**<u>शेतकी खात्याचो डिसेंबर म्हयन्याचो नियाळ</u>**

ता. 15 जानेवारी 2021

राज्यांत सगळीं कडेन कड्डणांची पिकां रोवपाची कामां लागींलागीं पुर्ण जाल्यात. शेतकारांक रब्बी पालेभाज्यांची लागवड करपाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर 50 टक्के अनुदान किंमतीत बियाणांचे वाटप केले. रब्बी मोसमात शेतकारांक शेती लागवडी खातीर सारे, किटक नाशकां, भाज्यांची बियांणी, भात बियांणी उपलब्ध करपा खातीर शेतकी खात्यान वेवस्था केल्या. बागायतदार, पेडणे तालुका शेतकरी संस्था आनी हेर सहकारी संस्थांनी सारी, किटक नाशकां आनी बियांणी उपलब्ध करतले.

शेतकारांमदी प्रधानमंत्री पिक विमा येवजणेविशीं जागृताय करपा खातीर विभागीय शेतकी अधिकारी कार्यालयां आनी ग्रामपंचायतींनी जागृताय कार्यक्रमांचे आयोजन केले.

1702 फळझाडां, 112 शोभेची झाडां तयार करून विकली. पोरणे गोंयच्या एला फार्मात तणापासून सारे करपाचो प्रयोग चालू आसा. तशेंच पालेभाज्यांच्या लागवडी खातीर जमीन तयार करपाच्या कामाक सुरवात जाल्या.

सावयवेरेच्या रामनाथ कृष्णा पै रायकार कृशी महाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांक प्रशिक्षण दिवपाचे काम केले. तशेंच 318 माती नमुन्यांचे परिक्षण केले. साडेआठ किल अळंब्याचे बी तयार करून विकले. 260 किल भात बायाणे, 2537 किल कड्डणांची बियांणा आनी 36.40 किल भाज्यांची बियांणी विभागीय शेतकी कार्यालयांनी उपलब्ध केली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/72

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa